आकाशवाणी पणजीच्या

प्रादेशिक खबरा विभागा

राष्ट्रीय खबरो राजश्री कामत 12.06.2025 @ 8.40 am

मुखेल खबरो

केंद्रीय मंत्रीमंडळान रेल्वे मंत्रालयाच्या दोन प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या

केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह या वर्सा जुलैत कुटुंब निवृत्तीवेतनधारक आणि अति ज्येष्ठ निवृत्तीवेतनधारकांच्या कागाळींचे निवारण करपाक म्हयनोभर चलपी विशेष मोहीम २.० सुरू करतले

तात्काळ तिकिटा निष्पक्ष आणि पारदर्शक तरेन मेळची आणि खऱ्या प्रवाशांचे हित सांबाळपाक भारतीय रेल्वेन तात्काळ तिकिट बुकिंग प्रणालीत महत्त्वाचे बदल जाहीर केल्यात

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, केरळ, माहे, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.

आयसीसी वर्ल्ड कसोटी वस्तादपण फायनलींत पयल्या दिसाचो खेळ सोंपलो तेन्ना दक्षिण आफ्रिकेन ऑस्ट्रेलिये आड 4 धांवड्यो करून वटट 43 धांवड्यो केल्यो.

Vaishnav 50

केंद्रीय मंत्रीमंडळान रेल्वे मंत्रालयाच्या दोन प्रकल्पांक मान्यताय दिल्या, जाचो वट्ट 6,405 कोटी रुपया खर्च जातलो. ह्या प्रकल्पांत कोडेर्मा-बरकाकाना रेल्वे मार्गाचे दुपदरीकरण करपाक 3,63 कोटी रुपया आनी बल्लारी-चिकजाजुर रेल्वे मार्गाचे

दुपदरीकरण करपाक 3,342 कोटी रुपया खर्चाची मान्यताय मेळ्ळया. मंत्रीमंडळ बसके उपरांत नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें,

केंद्र सरकारान  सूर्यफूल, सोयाबीन पाम तेलां सयत कच्च्या खाद्यतेलावेल्या मुळावो सीमाशुल्क 20 टक्क्यां वयल्यान 10 टक्क्यांनी उणो केला. हाका लागून कच्च्या आनी शुध्द केल्ल्या खावपाच्या तेलांतलो आयात करांतलो फरक 8.75 टक्क्यांवयल्यान 19.25 टक्क्यांचेर पावला. खावपाच्या तेलांचे दर उणे करप, गिरायकांक थाकाय  दिवप आनी एकंदर म्हारगयायेचेर  आळाबंदा हाडपाक मदत करप हो ह्या निर्णयाचो हेत अशें गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशीक वितरण मंत्रालयान सांगलां.

S. Jaishankar

भारत-युरोपीय संघ मुक्त वेपार कबलात 2025 वर्साच्या निमाणे मेरेन शक्य आसा अशें परराश्ट्र मंत्री  S. Jaishankar सांगलां.युरोपीय संघटने कडेन आशिल्ल्या संबंदांक भारत व्हड प्राधान्य दिता, जाचो मुक्त वेपार कबलातिची  वाटाघाटी आसा जी खूब बरी प्रगती करीत आसा अशें तांणी सांगलें.

जितेंद्र सिंह

केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह या वर्सा जुलैत कुटुंब निवृत्तीवेतनधारक आणि अति ज्येष्ठ निवृत्तीवेतनधारकांच्या कागाळींचे निवारण करपाक म्हयनोभर चलपी विशेष मोहीम २.० सुरू करतले. कुटुंब निवृत्ती वेतनधारक आणि अति ज्येष्ठ निवृत्ती वेतनधारकांच्या दोन हजार २१० कागाळींचे निवारण करपाक पेन्शन आणि पेन्शनर कल्याण विभाग ही मोहीम सुरू करता. कार्मिक, भौशिक कागाळ आणि निवृत्तीवेतन मंत्रालयाच्या पेन्शन सचिवांच्या अध्यक्षतेखाला निवृत्ती वेतनधारकांच्या कागाळींचे निवारण करपी नोडल अधिकाऱ्यांची विशेष मोहीम २.० ची सुरळीत आणि अखंड

अंमलबजावणी सुनिश्चित करपाक जारी केल्या मार्गदर्शक तत्वांचेर एक पूर्वतयारी बसका जाली

अश्विनी

त्रिपुरा सावन काश्मीराक वचपी  बीएसएफ कर्मचाऱ्यांक अयोग्य आणि पोरण्यो गाडयो दिल्याबद्दल केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी अधिकाऱ्यांचेर कडक कारवाय केली. अलीपुरद्वार विभागातल्या चार अधिकाऱ्याक तात्काळ  निलंबित केल्यात. निलंबित अधिकाऱ्यांमदी ईशान्य सीमावर्ती रेल्वे झोनच्या अलीपुरद्वार विभागाचे तीन वरिष्ठ विभाग अभियंते आणि कोचिंग डेपो अधिकारी हांचो आसपाव आसा. वैष्णव हाणी म्हणले की सुरक्षा दलांची प्रतिष्ठा आणि आराम ही सर्वोच्च प्राथमिकता आसा आणि खंयच्याच स्तरार असो निष्काळजीपणा सहन करचे नात. रेल्वे मंत्रालयान पुराय घडणुकेची सविस्तर चौकशी करपाचे आदेशय दिल्यात.

रेल

तात्काळ तिकिटा निष्पक्ष आणि पारदर्शक तरेन मेळची आणि खऱ्या प्रवाशांचे हित सांबाळपाक भारतीय रेल्वेन तात्काळ तिकिट बुकिंग प्रणालीत महत्त्वाचे बदल जाहीर केल्यात. हे बदल वापरकर्त्यांचे प्रमाणीकरण वाडोवपाक आणि योजनेचो गैरवापर कमी करपाक केल्यात. नवीन तरतुदी प्रमाण ऑनलाइन तात्काळ बुकिंगा खातीर १ जुलै २०२५ सावन, IRCTCच्या अधिकृत वेबसाइट आणि मोबाइल एपावरवीच बुक केलली तात्काळ तिकिटा फक्त  आधारान प्रमाणित केल्या वापरकर्त्यां खातीर उपलब्ध आसतली. याशिवाय, १५ जुलै २०२५ पासून ऑनलाइन केल्या तात्काळ बुकिंगारवातीर आधार-आधारित ओटीपी प्रमाणीकरण अनिवार्य आसतले संगणकीकृत प्रवासी आरक्षण प्रणाली (पीआरएस) काउंटराचेर आणि अधिकृत एजंटावरी बुक केल्या तात्काळ तिकिटांक बुकिंगच्या वेळार वापरकर्त्यान दिल्या

मोबाइल नंबरचेर ओटीपी प्रमाणीकरण धाडचे पडटले. हीय तरतूद १५ जुलै २०२५ पासून लागू जातली.

क्रिटिकल ओपनिंग कालावधीत व्हडा प्रमाणात बुकिंग रोख पाक, भारतीय रेल्वेच्या अधिकृत तिकीट एजंटांक बुकिंग विंडोच्या पयल्या ३० मिनिटांत ओपनिंग डे तत्काळ तिकिटां बुक करपाची परवानगी दिवचे ना. एसी क्लासेस खातीर हे निर्बंध सकाळी १०:०० ते १०:३० आणि नॉन-एसी क्लासेस खातीर सकाळी ११:०० ते ११:३० मेरेन लागू आसात. तत्काळ बुकिंगमध्ये पारदर्शकता सुधारपाक आणि योजनेचे फायदे खऱ्या अंतिम वापरकर्त्यां मेरेन पावतले हाची खात्री करपाक हे बदल लागू केल्यात

UGC

ज्या संस्थांत विद्यार्थ्यांक अनिवार्य केल्ले रॅगिंग विरोधी उपक्रम आणि अनुपालन उपक्रम सादर केले ना तांका ३० दिसांच्या भितर अँटी-रॅगिंग अनुपालन सादर करपाचे आणि सगळ्या विद्यार्थ्यांकडच्यान ऑनलाइन उपक्रम घेवपाचे निर्देश यूजीसीन दिल्यात. या संस्थांक कॅम्पसात रॅगिंग रोख पाक घेतिल्या उपाय येवजण्यांचो व्यापक अहवाल दिवपाक सांगला. यूजीसीन अशेय शिटकायला की निर्धारित वेळेत पालन केले ना तर नियामक कारवाय जावंक शकता, ज्यातुन मान्यताय रद्द करप यूजीसी अनुदान आणि निधी काढून घेवप आसपावता

जयशंकर

परराष्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी अधोरेखित केला की जगान हे समजून घेवंक जाय की भारत आणि पाकिस्तानमदलो तणाव हो फक्त द्विपक्षीय मुददो न्हयय तर दहशतवादा बद्दलची जागतिक चिंता आसा आणि हो धोको निमणो हेर जगाक त्रास दितलो. ब्रुसेल्सत एका युरोपियन माध्यमाक दिल्या मुलाखतीत

त्यांनी  ओसामा बिन लादेनचो तांका उगडास करून दिलो आणि पाकिस्तानी शारात वर्षानवरसा रावपाक ताका सुरक्षित कित्याक दिसले असो प्रस्न केलो.

गोयल

भारत आणि स्वीडनान स्वच्छ ऊर्जा, डिजिटल तंत्रज्ञान, हवामान, भलायकी सेवा आणि जीवन विज्ञान तशेच  विकास यासारख्या क्षेत्रांत सहकार्य घटमुट करपाचेर चर्चा केली. केंद्रीय वाणिज्य मंत्री पियुष गोयल हाणी स्टॉकहोमात आंतरराष्ट्रीय विकास सहकार आणि परराष्ट्र व्यापार मंत्री बेंजामिन दोसा आणि स्वीडनचे परराष्ट्र व्यापार राज्य सचिव हकन जेव्हरेल हांचे वांगडा बसका घेतली. गोयल हाणी म्हणले की त्यांनी भारताच्या वाढत्या  मुळाव्या सुविधा आणि उत्पादन क्षेत्रात स्वीडिश सहभाग अधिकाधिक जावपाक आमंत्रण दिला

चौहान

केंद्रीय कृषी आणि शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंह चौहान हाणी राष्ट्रीय राजधानीत सुरू आशिल्या 'विकसीत कृषी संकल्प अभियान' अंतर्गत दिल्लीत शेतकऱ्यांकडे संवाद साधलो. त्यांच्या भेटीवेळार, मंत्र्यांनी शेतकऱ्यांक येवपी अनुदानापासून ते पुरवण साखळी मेरेनच्या समस्यांची दखल घेतली. त्यांनी शेतकऱ्यांक आश्वासन दिले की ते त्यांच्यो समस्या दिल्ली सरकारा मुखार मांडतले आणि केंद्राच्यो सगळ्यो येवजण्यो  योग्यरित्या राबोवपाची  खात्री करतले. शेती खातीर नवीन तंत्रज्ञान विकसित करपाक सरकार शेतकार आणि शास्त्रज्ञां वांगडा मुखावेली  बसका घेतलो अशेय ताणी सांगले

गोंय

गोंय विधानसभेचे पावसाळी अधिवेशन 22 जुलैय सावन सुरु जातले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. मंत्रिमंडळाच्या बसकेत गोंयचे दायज,

सुवाती, थळा राखपाच्या धोरणाक मंजुरी मेळ्ळ्या.ह्या धोरणावरवी गोंयंतल्यो सुमार 200 दायज, इतिहासिक आनी पुरातत्व महत्व आशिल्लया सुवांतीक आनी थळांक सुरक्षितताय आनी खासा आरक्षित सुवात म्हण दर्जो मेळटलो अशी म्हायीत मुखेलमंत्र्यान दिली. म्हैसाळ पंचवाडी वाठारात उदक शुध्दीकरणाच्या 10 एमएलडी उदका प्रकल्पाक मान्यचाय दिवपाचो निर्णय, रान हक्काचे दावे निकालात काडपाखातीर नवो सर्वेयर नेमपाचो निर्णय सरकारान घेतला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी मंत्रिमंडळाच्या बसके उपरांत घेतिल्लया पत्रकार परीशदेत दिल्या. हे शिवाय कंत्राटी पध्दतीचेंर गोंय वैजकीय म्हाविद्यालयात कंत्राटी पध्दतीचेर दोतोरांची भरती, रान खात्यान वतीन बोंडला अभयारण्यात एक पशु वैद्यकीय दोतोर नेमप, प्रस्तावित युनिटी मॉलाच्या कामाची वर्क ओर्डर दिवपाक निर्णय ह्या बसकेत जाला.

फायनॅन्स

यूपीआय वेव्हाराचेर वेपारी सवलतीचो दर (एमडीआर) लागू जातलो असो अदमास आनी दावे पुरायपणान फटीचे , निराधार आनी चुकीचे आसात अशें अर्थ मंत्रालयान सांगलां. अशे तरेचे निराधार आनी खळबळजनक अदमास आमच्या नागरिकां मदीं गरजे भायर अनिश्चितताय, भंय आनी दुबाव निर्माण करतात आनी यूपीआय वरवीं डिजिटल फारीकणी वाडोवपाक सरकार पुरायपणान कटिबद्ध आसा अशें तातूंत म्हणलां.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान फुडल्या तीन दिसांत कर्नाटक, कोंकण, गोंय, केरळ, माहे, महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला. केरळ आनी माहेचेर आयज काय सुवातीनी गडगड मारपाची शक्यताय आसा. अंदमान आनी निकोबार जुंव्यांचेर, बिहार, आंध्र प्रदेश, मध्य प्रदेश,

तेलंगणा आनी उत्तराखंडात काय सुवातीनी  गडगड आनी खर वारें मारपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला.

क्रिकेट

आयसीसी वर्ल्ड कसोटी वस्तादपण फायनलींत पयल्या दिसाचो खेळ सोंपलो तेन्ना दक्षिण आफ्रिकेन ऑस्ट्रेलिये आड 4 धांवड्यो करून वटट 43 धांवड्यो केल्यो. पयल्या दिसा दमदार खेळा उपरांत दक्षिण आफ्रिकेचो कर्णधार टेम्बा बावुमा आनी डेव्हिड बेडिंगहॅम दुसरया दिसा डाव परतून सुरू करतले.